प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहार आनी उत्तर प्रदेशांत 96 हजार कोटी रुपयां मायज मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी जम्मूत उंचेल्या पावडयावेली बसका घेवन सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. वर्सुकी अमरनाथ यात्रे खातीरच्या सुरक्षा आनी हेर वेवस्थेचो शाह हाणी नियाळ घेतलो.

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगालचो गांगेय वाठार, बिहार, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकाल, कर्नाटकाच्या दर्यादेगेर, केरळ, आनी माहेत काय सुवातींनी दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला.

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं जाल्ले क्वालिफायरात रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून पंजाब किंग्साक 8 विकेटींनी हारोवन सर्तीच्या फायनलींत पावल घाले.

PM UP – 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहार आनी उत्तर प्रदेशांत 96,000 कोटी रुपयां मायज मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले. बिहारांत प्रधानमंत्री मोदी आयज सकाळीं रोहतास जिल्ह्यांतल्या बिक्रमगंजांत 48,520 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या उर्जा, रस्ते आनी रेल्वे जोडणी संबंदीत जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण, बुन्याद घालतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले. तशेंच बिक्रमगंजांत जाहीर सभेत ते उलोवप करतले. प्रधानमंत्री औरंगाबाद जिल्ह्यांत 29,930 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या नबीनगर सुपर थर्मल पॉवर प्रकल्पाच्या दुसर् या टप्प्याचो बुन्याद घालतले. हो प्रकल्प पुराय जातकच बिहार आनी उदेंत भारता खातीर उर्जा सुरक्षीतताय सुनिश्चीत जातली, उद्देगीक वाड जातली, नोकऱ्यांच्यो संदी निर्माण जातली, आनी ह्या वाठारांत परवडपी वीज मेळटली अशी अपेक्षा आसा. उत्तर प्रदेशांत प्रधानमंत्री आयज दनपारां कानपूर नगरांत सुमार 20,900 कोटी रुपयांच्या उदरगत प्रकल्पांचें अनावरण करतले.

PM Bengal sikkim – 85

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल अलीपुरद्वार जिल्ह्यात अलीपुरद्वार परेड मैदानाचेर शार आधारित गॅस वितरण प्रकल्पाची बुन्याद घाली. 1017 कोटी रुपयांच्या प्रकल्पाक लागून अस्तंत बंगालांतल्या अलीपुरद्वार आनी कूचबीहार जिल्ह्यांतल्या लोकांक फायदो जातलो. ह्या कार्यावळींत उलयतना प्रधानमंत्र्यांनी

सांगलें, फाटल्या दशकांत केंद्र सरकारान अस्तंत बंगालांत हजारांनी कोटी रुपयांचे साबार उदरगत प्रकल्प सुरू केल्यात.

सिक्कीम @५० कार्यक्रमाक काल व्हर्च्युअल रित्या संबोधित करताना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, सिक्किम सयत पुराय ईशान्य देशाचे प्रगतींत एक चकचकीत अध्याय जावपाक लागला. सिक्किम संवसारीक पर्यटन थळ आनी संवसारांतलें पाचवें मॉडेल राज्य जातलें अशें तांणी सांगलें.

Amit shah – 55

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी काल राती जम्मूत उंचेल्या पावडयावेली बसका घेवन जम्मू आणि काश्मीरात सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. अंदू 3 जुलयाक सुरू जावपी वर्सुकी अमरनाथ यात्रा खातीर सुरक्षा आनी हेर वेवस्थेचो शाह हाणी नियाळ घेतलो. तांकां ह्या यात्रे खातीरच्या सुरक्षा उपाय येवजणे विशीं म्हायती दिली. शाह काल सांजवेळा केंद्रशासीत प्रदेशाच्या दोन दिसांच्या भेटेर जम्मूत पावले.

JAISHANKAR-NEWZEALAND FM VISIT - 130

भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदले संबंद वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी विस्तारत आसात अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी सांगला. काल नवी दिल्लींत न्यूझीलंडाचे उपप्रधानमंत्री आनी परराश्ट्र मंत्री विन्स्टन पीटर्स हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत तांणी हे व्यक्तव्य केले. डॉ जयशंकर हांणी न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्तोफर लक्सन हांच्या हालींच्या भारत भेटीच्या यशाचेर उजवाड घालो, ह्या वेळार दोनूय राश्ट्रांनी मुक्त वेपार करार (FTA) वाटाघाटी सुरू केल्यो आनी जायत्या करारांचेर स्वाक्षरी केली.

पीटर्स काल दनपारां दोन दिसांच्या अधिकृत भोंवडेर नवी दिल्लीत पावले. तांका येवकार दितना सोशल मिडिया पोस्टांत परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें की, ही भेट भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदल्या उंचेल्या पांवड्यावेल्या आदान-प्रदानाची गती दाखयता. ताका लागून दोनूय देशां मदले उबदार आनी इश्टागतीचे संबंद आनीक घट जातले अशें तांणी सांगलें. ह्या भेटी वेळार पीटर्स भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे.पी.नड्डा हांचींय भेट घेतले.

Chauhan – 120

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काल ओडिशाच्या पुरी जिल्ह्यांतल्या सखीगोपाळांतल्यान 'विकसित कृशी संकल्प अभियानाची सुरवात केली. ही मोहीम शास्त्रज्ञ आणि शेतकऱ्यांमधी द्विमार्गी संवादाक प्रोत्साहन दिता अशे तांणी सांगले. हाचे खाला शास्त्रज्ञ संशोधन आनी तंत्रीक माहिती सामायिक करतले आनी शेतकारां सामकार आशिल्ल्या आव्हानांचोय डेटा एकठांय करतले अशें तांणी सांगलें. या उपक्रमात भारतीय कृषी संशोधन परिषद (ICAR) आणि कृषी विज्ञान केंद्रां मदल्या तज्ज्ञांचो आसपाव आसा जाका लागून 'प्रयोगशाळा ते जमीन' कनेक्शन घटमूठ जातले. सोळा हजार शास्त्रज्ञांचे पंगड स्थापन केल्यात, जे गांवां गांवांत वचून शेतकारां कडेन संपर्क सादतले अशें तांणी मुखार सांगलें. 15 दिसांच्या मोहिमेत चौहान सुमार 20 राज्यांनी भोंवतले.

मजगतीं, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, लद्दाख, नागालँड, अस्तंत बंगाल, पुडुचेरी आनी हेर राज्यांनीय देशव्यापी विकसित कृशी संकल्प अभियानांत वांटो घेतला.

PM-VISKIT KRISHI SANKALP ABHIYAN - 85

भारताक विकसीत राश्ट्र करपाच्या दिकेन एक महत्वाचे पावल म्हूण देशांतल्या शेतकी क्षेत्राची उदरगत करपाचें म्हत्व प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अधोरेखित केले. ओडिशांत विकसीत कृशी संकल्प अभियानाच्या उक्तावण सुवाळ्या वेळार आपल्या सोशल मिडिया अकाउंटाचेर व्हिडियो संदेशांत तांणी सांगलें, शेतकारांच्या उत्पादनांक फावो ते दर सुनिश्चीत करप आनी शेतकी अर्थवेवस्था घटमूट करप हाज्या संयत शेतकी संबंदीत वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर केंद्र सरकार उपाय काडटा.

Goa Rajnath – 70

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी ऑपरेशन सिंदूरात सक्रिय भागीदारीखातीर भारतीय महिलांचे कौतुक केले. गोंयांत नविका सागर परिक्रमा द्वितीयच्या दुसर् या टप्प्या खातीर आयएनएस तारिणीच्या स्वागतपर सुवाळ्यांत उलयतना सिंग हांणी सांगलें, महिला पायलटांनी ऑपरेशन वेळार हवाई दलाच्या हल्ल्यांत महत्त्वपूर्ण योगदान दिले. सिंह हाणी कमांडरानी २३८ दिस समुद्रात रावन आणि ४७ हजार किलोमीटरपेक्षा चड प्रवास केल्याच्या असाधारण कामगिरीबद्दल तांचे कौतुक केले. तांच्या ह्या कामगिरीचो राष्ट्राक अभिमान आसा अशें तांणी सांगलें.

मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सैमा कडेन खोलायेन जोडपाची गरज अधोरेखित केली.

Nadda TB –110

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी काल आठ राज्यांच्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या भलायकी मंत्र्यां कडेन उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतली. ह्या बसकेंत टीबी आणि गोवर-रुबेला निर्मूलन,प्रधानमंत्री आयुष्मान भारत आरोग्य पायाभूत सुविधा अभियान (PM-ABHIM) आनी पंदराव्या अर्थ आयोगा खाला निधीचो वापर करपा विशीं जाल्ले प्रगतीचो नियाळ बसकेंत केलो. हि राज्या आसात पुडुचेरी, उत्तर प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, गोय, पंजाब, अरुणाचल प्रदेश झारखंड आणि राजस्थान. ह्या बसकेंत नड्डा हांणी 100 दिसांच्या इंटन्सिफायड टीबी-मुक्त भारत अभियानांत राज्यांनी उमेदीन वांटो घेतिल्ल्या खातीर तांची तोखणाय केली. या अभियानात सुमार 13 कोटी लोकांची क्षयरोग तपासणी जाली, देशभरांत 7.19 लाखां वयर क्षयरोग दुयेंतीं सापडले. भलायकीमंत्र्यांनी क्षयरोगाविरुद्धच्या लढयात चडान चड लोकसहभागाचे आवाहन केले.

IMD – 80

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगालचो गांगेय वाठार, बिहार, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकाल, कर्नाटकाच्या
दर्यादेगेर, केरळ, आनी माहेत काय सुवातींनी दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला. फुडल्या 7 दिसांक आसाम, मेघालय, अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम, आनी त्रिपुरात अशीच परिस्थिती आसतली असो अदमास खात्यान उक्तायला. मेघालयांत आयज कांय सुवातींनी मुसळधार पावस पडूं येता असो अदमास खात्यान उक्तायला.

आयपीएल - १२०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती चंदीगडातल्या मुल्लानपूरात जाल्ल्या पयल्या क्वालिफायरात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडान पंजाब किंग्ज पंगडाक ८ गड्यांनी हारोवन निमण्या फेरीयेत पावल घाले

पहिल्या क्वालिफायरउपरांत, सगळ्यांची नदर आता एलिमिनेटरचेर आसा. एलिमिनेटरच्या खेळात मुंबई इंडियन्स आयज गुजरात टायटन्स पंगडा आड खेळतलो. ह्या दोनूंय पंगडामदलो जैतीवंत पंगड १ जूनाक दुसऱ्या क्वालिफायर खेळात पंजाब किंग्ज पंगडा आड खेळतलो. दुसऱ्या क्वालिफायरमदलो जैतीवंत पंगड ३ जूनाक अहमदाबादेतल्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमात जावपी निमण्या खेळात रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू पंगडाआड खेळतलो.